CM 230

रेखा गुप्ता हांणी दिल्लीची नवीन मुख्यमंत्री म्हण सोपुत घेतलो. भाजपची आमदार आशिल्ली रेखा गुप्ता यांनी आज दुनपारा राष्ट्रीय राजधानीतल्या प्रतिष्ठित रामलीला मैदानार दिल्लीची नवीन मुख्यमंत्री म्हणून शपथ घेतली. दिल्लीचे उपराज्यपाल व्ही.के. सक्सेना यांनी सुश्री गुप्ता हांका पद आणि गोपनीयतेचो सोपुत दिलो. स कॅबिनेट मंत्री - परवेश साहिब सिंग, आशिष सूद, मनजिंदर सिंग सिरसा, रविंदर इंद्रराज सिंग, कपिल मिश्रा आणि पंकज कुमार सिंग हांणीय सोपुत घेतलो. शपथविधी सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, कैंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आणि खुपशे कैंद्रीय मंत्री उपस्थित आशिल्ले.खुपशा राज्यांचे मुख्यमंत्री आणि उपमुख्यमंत्री लेगीत या कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

सोपुत घेतल्या उपरांत, रेखा गुप्ता ही चवथी बायल मुख्यमंत्री आणि दिल्लीची दुसरी बायल भाजप मुख्यमंत्री थारल्या. काल सांजवेळा राष्ट्रीय राजधानींत जाल्ले भाजपा विधीमंडळ पक्षाचे बसकेंत तांकां दिल्लीचे नवे मुख्यमंत्री म्हणून वेंचून काडले. काल राजनिवासांत सुश्री गुप्ता हांणी लेफ्टनंट गव्हर्नर व्ही. के. सक्सेनाक मेळून नवे सरकार घडोवपाचो दावो केलो. उपराज्यपालान हो दावो मान्य करून भाजपा फुडाऱ्याक सरकार घडोवपाक आपयलो. हाचे आदीं सोपूत घेवपाच्या सुवाळ्या आदीं प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना रेखा गुप्तान मुख्यमंत्री पदाची जापसालदारकी आपल्याचेर सोंपयिल्ल्या खातीर पक्षाच्या वरिश्ठ फुडारपणाचे उपकार मानले. दिल्लीच्या लोकांच्या कल्याणा खातीर आनी उदरगती खातीर पुराय प्रामाणीकपणान, प्रामाणीकपणान आनी समर्पणान वावुरपाचें उतर तांणी दिलें.

हालींच जाल्ले दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत सुश्री गुप्ता शालीमार बाग मतदारसंघांतल्यान जिखली. ताणी 1992 वर्सा दिल्ली विद्यापिठाच्या दौलत राम कॉलेजींत एबीव्हीपी वांगडा राजकी प्रवास सुरू केलो. १९९६ वर्सा ती दिल्ली विद्यापीठ विद्यार्थी संघटनेची अध्यक्ष जाली. दिल्लींतल्या भाजपा महिला मोर्चाचे सरचिटणीस म्हणूनय तिणें काम केलां.

विजेंदर 55

भाजप फुडारीआणि रोहिणीतले आमदार विजेंदर गुप्ता हे दिल्ली विधानसभेचे अध्यक्ष म्हणून सोपुत घेतले. त्यांनी रोहिणी विधानसभा मतदारसंघातल्यान  आम आदमी पक्षाचे प्रदीप मित्तल यांच्याविरुद्ध ३७ हजारांहून अधिक मतांनी विजय मेळयला

पत्रकारांशी उलयताना,  गुप्ता यांनी दिल्ली विधानसभेच्या अध्यक्षपदाची जबाबदारी दिल्याबद्दल पक्षाचे आभार मानले.  गुप्ता हांणी म्हणले की, ते त्यांची जबाबदारी निभायतलेआणि सभागृहात बरे तरेची चर्चा जातली अशी आशा व्यक्त केली.

भलायकी 65

३० वर्साआणि ताचेवेल्या सगळ्या व्यक्तींक शंभर टक्के कव्हरेज मेळाचे याखाली  केंद्रान आज एक विशेष असंसर्ग जन्य रोग तपासणी मोहीम सुरू केली. केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान सांगले की, या उपक्रमाचे उद्दिष्ट गोडेमुत, उच्च रक्तदाब आणि तोंड, स्तन आणि गर्भाशयाच्या तीन सामान्य कर्करोगांसयत सगळ्या व्यक्तींची प्रचलित असंसर्गजन्य दुयेंसा खातीर तपासणी करप आसा. आमच्या प्रतिनिधीन दिल्या खबरे प्रमाण या मोहिमेचे उद्दिष्ट असंसर्ग जन्य  दुयेंसा खातीर निदान आणि वेळार उपचार सुनिश्चित करप आसा.

जयशंकर 70

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर जी-20 परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेंत वांटो घेवपा खातीर दक्षिण आफ्रिकेचो आंतरराष्ट्रीय संबंद आनी सहकार मंत्री रोनाल्ड लामोला हांच्या आमंत्रणाचेर आयज सावन दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गाक दोन दिसांची भेट सुरू करतले. जी-20 एफ एम एमांत परराश्ट्र मंत्र्यांचो वांटो आशिल्ल्यान जी-20 देशां कडेन भारताचे संबंद आनीक घटमूट जातले आनी ह्या म्हत्वाच्या मंचाचेर जागतीक दक्षिणाचो आवाज घटमूट जातलो. परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेच्या संदर्भांत डॉ. जयशंकर कांय द्विपक्षीय बसका घेवपाची शक्यताय आसा

प्रसारण 140

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान ऑनलायन क्युरेट केल्ल्या सामुग्री प्रकाशकां (ओटीटी प्लॅटफॉर्म) खातीर आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांच्या स्वयं-नियामक संस्थां खातीर सल्लागार जारी केला.

भारताच्या कायद्यांचे आणि माहिती तंत्रज्ञान नियम, २०२१त थारायिल्ल्या आचारसंहितेचें खर पालन सुनिश्चीत करपा खातीर हो सल्लागार जारी केला. कांय ओटीटी प्लॅटफॉर्म आनी सोशल मिडिया प्रकाशकांनी उजवाडाक हाडिल्ल्या अश्लील, लैंगिक अश्लील आनी असभ्य सामुग्रीचो प्रसार करपा संबंदी संसद वांगड्यांचे संदर्भ, वैधानीक संस्थांचे प्रतिनिधीत्व आनी भौशीक कागाळी उपरांत हो सल्लो जारी केला. मंत्रालयान आपल्या सल्लागारांत आचारसंहिते खाला थारायिल्ल्या सामुग्रीच्या पिराये प्रमाण वर्गीकरणाचेर खर पालन करपाचेर भर दिला. प्लॅटफॉर्मवरवीं आचारसंहितेचें उल्लंघन केल्यार योग्य सक्रिय कारवाय करपाची विनंती ओटीटी प्लॅटफॉर्मांच्या स्वयं-नियामक संस्थांक केल्या. बायलांचें अश्लील प्रतिनिधित्व कायदो, 1986, भारतीय दंड संहिता BNS,2023, लैंगीक गुन्यांवांतल्यान भुरग्यांची राखण कायदो (POCSO) कायदो आनी म्हायती तंत्रज्ञान (आयटी) कायदो, 2000 हांच्या तरतुदीं कडेन मंत्रालयान ओटीटी प्लॅटफॉर्मांचें लक्ष वेधले जातूंत अश्लील वा असभ्य सामुग्री प्रकाशीत करप हो दंडनीय गुन्यांव थारता.